# कला आनी संस्कृती खात्याच्या माटोळी सजावट सर्तीचो निकाल

ता. 11 सप्टेंबर 2019

कला आनी संस्कृती खात्यान ह्या वर्सा गणेश चतुर्थीच्या उत्सवात आयोजीत केल्ल्या राज्यपातळीवयल्या माटोळी सजावट सर्तीचो निकाल जाहीर केला. ह्यावर्सा सर्तीत 14 सर्तकांनी वाटो घेतिल्लो. सर्तीचे पयले 15,000/- रूपयांचे बक्षीस गावठण- प्रयोळ, फोंडेचे श्री. दत्ता शंभू नाईक, दुसरे 10,000/- रूपयांचे बक्षीस कोपरवाड-कुर्टी, फोंडेचे श्री. श्रीकांत पंढरी सतरकर आनी तिसरे 7,500/- रूपयांचे बक्षीस केळबाय-कुर्टी, फोंडेचे श्री. वसंत गावडे हांका फावो जाला.

जाल्यार उमेद वाडोवपी प्रत्येकी 5,000/- रूपयांचे बक्षीस गजानन बांदेकार, वेलवाडो-पैंगीण, तानाजी काशीनाथ गावडे, तळूले-बांदोडे, रंगनाथ गावकार, गोठावाडा-बेतोडे, दीपक धानू गावकार, सात्र्टे-सत्तरी आनी रंगनाथ गोविंद गावकार, मये-दिवचल हांक फावो जाला. राज्य पावंड्यावयल्या माटोळी सर्तीचे परीक्षक म्हुण श्री. राजेंद्र केरकार, सुदेश वजे आनी कांता गावडे हांणी काम पळयले. सर्तीतल्या जैतवंतांक बक्षीसां आनी प्रमाणपत्रां कला आनी संस्कृती खात्याच्या विशेश कार्यक्रमात भेटयतले आनी कार्यक्रमाची तारीख उपरांत कळयतले.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/566

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA
PHONE-0832-2422675